गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>मुख्यमंत्र्याचो विध्यार्थ्यांकडेन संवाद</u>**

ता. २५ ऑक्टोबर २०१९

०३ कार्तिक १९४१

व्हायब्रण्ट गोवा फाऊंडेशनान आयोजीत केल्ल्या व्हायब्रण्ट गोवा- ह्या प्रदर्शन तथा गुंतवणूक परिशदेक लागून गोंयात सगळ्या क्षेत्रात उबारी आयिल्ल्याचे जाणवता. तशेंच ह्या परिशदेक लागून विध्यार्थ्यांक विदेशी प्रतिनिधीकडेन संवाद साधपाची संद मेळ्ळी आनी हो अनुभव तांका वेवसायाच्यो संदी सोदपाक फायदेशीर थारतलो, अशें मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी काल ताळगावच्या कम्युनिटी सभाघरात व्हायब्रण्ट गोवा फाऊंडेशनान आयेजीत कार्यक्रमात व्हायब्रण्ट गोवा-प्रदर्शन तथा परिशदेत सहभागी जाल्ल्या विध्यार्थ्या कडेन संवाद साधताना सांगले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, पदवी शिक्षण पूर्ण जाले उपरांत चडशें विध्यार्थ्यी नोकरी सोदपाक लागतात. विध्यार्थ्यांनी ही मानसीकताय बदलपाक जाय आनी आपल्या मदली कुशळताय आनी ताक जाणून घेवन उच्च शिक्षण घेवपाक जाय. ते खातीर विध्यार्थ्यांक योग्य मार्गदर्शनाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

श्री. दिनेश धुळापकर, श्री. अरमान बकले, गौतम खरंगाटे, मनोज पाटील, विनय वर्मा ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

व्हायब्रण्ट गोवा फाऊंडेशनाचे अध्यक्ष श्री. नितीन कुंकळ्येकर आनी राजकुमार कामत हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

सुरवेक श्री. विनय वर्मा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ७४०

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA